15th August 2026 8.40am

मुखेल खबरो

- भारत देश आयज आपलो, 80वो स्वातंत्र्यताय दीस मनयता. दिल्लीच्या लाल किल्ल्यार, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी, देशाचे फुडाकारपण करताना, राश्ट्रध्वज उबारलो. लाल किल्ल्यार पयलेच खेपे, 'वंदे मातरम' राश्ट्रीय गीत जाले सादर. प्रधानमंत्र्यांनी राष्ट्राक केले संबोधित.
- राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी स्वातंत्र्य दिसानिमतान, संरक्षण दळ आनी केंद्रीय सशस्त्र पुलीस दळाच्या कर्मचाऱ्यांक भेटोवपी, 78 गॅलेंट्री पुरस्कारांक मान्यताय दिल्या.
- भारतीय अर्थवेवस्था सगळ्यांत नेटान वाडपी मुखेल अर्थवेवस्था थारल्या, अशें राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी सांगलां.
- जम्मू-काश्मीर आनी लद्दाख हो भारताचो एक अविभाज्य आनी अभिन्न भाग, अशें भारतान परतून सांगलां.
- क्रिकेटांत गाले आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट स्टेडियमांत सुरू जावपी, भारत आनी श्रीलंकेच्या दोन मॅचीच्या मालिकेची पयली मॅच, आयज जाता.

PM स्वातंत्र्य दिवस -

भारत देश आयज आपलो, 80वो स्वातंत्र्यताय दीस मनयता. दिल्लीच्या लाल किल्ल्यार, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी, देशाचे फुडाकारपण केले. प्रधानमंत्री थंय पावतकच, लाल किल्ल्यार पयलेच खेपे वंदे मातरम हें राश्ट्रीय गीत सादर जालें. उपरांत, प्रधानमंत्र्यानी राश्ट्रध्वज उबारलो आनी ताचे उपरांत राष्ट्रगीत गायलें. राष्ट्रध्वज उबारतना, 21 तोफांची सलामी दिली आनी भारतीय वायुसेनेच्या दोन एमआय-17 हेलिकॉप्टरांनी, फुलांचो वर्षाव केलो. अंदूंचो हो उत्सव, युवा शक्तीचो सन्मान करपी आसा आनी २०४७ मेरेन 'विकसित भारत' करपाक, तरणाट्याचे योगदान अधोरेखित करता. लाल किल्ल्याच्या तटबंदीवेल्यान राष्ट्राक संबोधीत करतना, प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें, कि फाटल्या बारा वर्सांत देशांतल्या नागरिकांनी आपल्या निर्धारान आनी समर्पणान देशाक, नव्या उंचायेर व्हरपाचे सगळे यत्न केल्यात. ह्या यत्नांक लागून 25 कोटी लोक गरिबींतल्यान भायर सरल्यात.

भारत आतां संवसारांतली एक मुखेल आनी सगळ्यांत नेटान वाडपी अर्थवेवस्था म्हणून मुखार आयल्या. 2047 मेरेन विकसीत राष्ट्र करपाचे व्हड ध्येय, भारतीयांनी थारायलां, अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें.

फाटल्या काय दिसांनी देशांतल्या कांय वाठारांनी खर हुंवार आनी पालसणा कोसळपाच्यो घडणुको जाल्ल्यान, जायत्या कुटुंबांचेर परिणाम जाला. सगल्या बाधित कुटुंबांक प्रधानमंत्र्यान आश्वासन दिलें, की पुराय राष्ट्र तांचे वांगडा उबें आसा.

वेगवेगळ्या क्षेत्रांतल्या कामगिरीचेर भर दितना प्रधानमंत्र्यान सांगलें, कि फाटल्या 12 वर्सांत संरक्षण उत्पादनांत सुमार चार पटींनी वाड जाल्या, खादी आनी गांव उद्देग उत्पादनांत सुमार पांच पटींनी वाड जाल्या, इलॅक्ट्रॉनीक उत्पादनांत सुमार सात पटींनी वाड जाल्या, आधुनीक रेल्वे डबे तयार करपाक 21 पटींनी वाड जाल्या आनी मोबायल फोन उत्पादनांत, 33 पटींनी वाड जाल्या. एनडीए सरकारान सामान्य मनशाच्या कल्याणा खातीर आनी सुविधां खातीर गंभीरतायेन काम केलां, अशें तांणी सांगलें.

राष्ट्रपती अवोर्ड -

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी स्वातंत्र्य दिसानिमतान, संरक्षण दळ आनी केंद्रीय सशस्त्र पुलीस दळाच्या कर्मचाऱ्यांक भेटोवपी, 78 गॅलेंट्री पुरस्कारांक मान्यताय दिल्या. हातूंतले 13 पुरस्कार हे मरणोत्तर भेटयतले. हातूंत णव कीर्ति चक्रां, one Bar to Shaurya Chakra, १९ शौर्य चक्र, five Bar to Sena Medals, ३६ सेना पदकां, तीन नौसेना पदका आनी पांच वायुसेना पदकांचो आस्पाव आसा.

Inde greetings VP Amit Shah Rajnath -

उपराष्ट्रपती सी. पी. राधाकृष्णन हांणी स्वातंत्र्यताय दिसा निमतान, देश वासियांक परबीं दिल्यांत. केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हाणी स्वातंत्र्य दिसा निमतान देशांतल्या परबीं दिल्यांत. देशाच्या स्वातंत्र्या खातीर आपलो जीव ओपिल्ल्या सगळ्या स्वातंत्र्य झुजाऱ्यांक, मंत्री शाहा हाणी श्रद्धांजली ओपली. संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी स्वातंत्र्य दिसा नागरिकांक परबी भेटयली. भारताच्या स्वातंत्र्या खातीर आपलें सर्वस्व ओपिल्ले, असंख्य स्वातंत्र्य झुजाऱ्यांच्या धैर, त्याग आनी सर्वोच्च शौर्याक मान दिवपाचो हो दीस, अशे तांणी म्हणला.

एनटीए Results –

राष्ट्रीय चांचणी एजन्सीन (एन.टी.ए) युजीसी-नेट जून 2026, CSIR-NET प्रवेशा खातीर, भारतीय शेतकी संशोधन मंडळ ICAR - अखिल भारतीय प्रवेश परिक्षा आनी पीएच.डी.ची अखिल भारतीय स्पर्धा परीक्षेची तात्पुरती उत्तरतालिका (provisional answer keys) फाल्या जाहीर करतली. उत्तरतालिका आपल्या संकेतथळार उजवाडायतले, अशें एन.टी.एन सांगलां. तशेच उमेदवारांक फकत, एनटीएच्या अधिकृत माहितीचेरूच आदारून रावचे, असो सल्लो दिला.

MEA Meet Pakistan -

जम्मू-काश्मीर आनी लद्दाख हो भारताचो एक अविभाज्य आनी अभिन्न भाग, अशें भारतान परतून सांगलां. काल राष्ट्रीय राजधानींत प्रसार माध्यमांक म्हायती दितना, विदेश वेव्हार मंत्रालयाचे प्रवक्ते रणधीर जायसवाल हांणी सांगलें, कि पाक-व्याप्त जम्मू-काश्मीरांत जावपी अत्याचार, आनी शिमेभायर आतंकवादाखातीर ताचो वापर, हाचो सध्या आंतरराष्ट्रीय समुदायाक हुस्को जाला.

राष्ट्रपती Economy & Naxal -

संवसारांतल्या जायत्या वाठारांनी झुजां आनी अस्थिरताय पातळिल्ली आसून लेगीत, भारतीय अर्थवेवस्था ही सगळ्यांत नेटान वाडपी मुखेल अर्थवेवस्था थारल्या, अशें राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी सांगलां. स्वातंत्र्याच्या दिसा निमतान काल राष्ट्राक संबोधीत करतना, राष्ट्रपती मुर्मू हांणी भारतीय अर्थवेवस्थेच्या वाडीचो दर, संवसारीक दराच्या दुपेटीन आसतलो, अशें मत उक्तायले.

नक्सलवाद हे राष्ट्राखातीर गंभीर आव्हान आशिल्ल्यान, देश नक्सलमुक्त करप, हि एक व्हड कामगिरी आसा, अशें राष्ट्रपती मुर्मू हांणी सांगलें. एके काळात नक्सलवादाचो परिणाम जाल्ले वाठार, आयज उमेदीन भरिल्ले वातावरणात आसात, अशेंय राष्ट्रपतीनी मुखार सांगलें.

TV Ad Restriction –

टीव्ही चॅनलांक, जायरातींच्या वेळातलो, 12 मिनटांचो कॅप काडून उडोवपाचो निर्णय सरकारान घेतला.

केबल दूरचित्रवाणी नेटवर्क नेम, 1994च्या गॅझेटींत दुरुस्तीची अधिसुचोवणी दिल्ल्या तारखे सावन, हो निर्णय लागू जातलो, अशे म्हायती आनी वितरावणी मंत्रालयान निवेदनांत म्हणलां. टीव्ही प्रसारण क्षेत्रांत जाल्ले बदल पळोवन, जायरातींच्या वेळा संबंदीत अटींचेर, परतून नदर मारपाची गरज दिसून आयली, अशें तातूंत म्हणलां.

इंडोनेशिया भूंयकांप -

इंडोनेशिया लागसार दर्यांत सकाळीं, 7 पूज्य 7 तीव्रतेचो खर भूंयकांप जाणवलो, जातूंत घरां आनी भौशीक इमारतींचें लुकसाण जालें. फ्लोरेस जुंव्यावयल्या चडशा वाठारांनी हो भूंयकांप जाणवलो. इंडोनेशियाच्या हवामानशास्त्र, विभागान कांय वाठारांनी सुनामीची शिटकावणी जारी करून, थंयच्या लोकांक दर्यादेग आनी न्हंयचे देगे पासून, पयस रावपाचो उलो मारला.

US Iran Dispute -

अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी, इराणच्या लश्करी सैन्याची हार अशें वर्णन केल्ल्यान, अमेरिकेन बेगीनूच हॉर्मुझ सामुद्रधुनीक अधिकृत अमेरिकन वाठार जाहीर करतले, अशें सांगला. ट्रम्प हांच्या उलोवपा उपरांत, रोखडेंच इराणान ताचे दावे न्हयकारले आनी तेहरानाच्यो अटी मान्य जाय मेरेन, हो रणनितीचो उदकामार्ग आडायला आनी तो परतून उगडचो ना, अशें सांगलें.

Odisha Flood -

उत्तर ओडिशात हुंवाराक लागून, जनजीण विस्कळीत जाला. पावसाक लागून न्हंयो व्हांवतात आनी गांव, रस्ते आनी सकयले वाठार उदकांत बुडून गेल्यात. केंद्रीय उदका आयोगान जायत्या, जिल्ह्यांनी हुंवार येवपाचो धोको आसा, अशी शिटकावणी दिल्या. भारतीय हवामान खात्यान सुंदरगढ, बारगढ आनी संबलपूर अशा चार जिल्ह्यां खातीर, ऑरेंज अलर्ट दिला आनी 26 जिल्ह्यां खातीर, YELLOW अलर्ट जारी करून, कांय सुवातींनी उटानगराचो पावस पडपाचो अदमास उक्तायला.

Cricket -

क्रिकेटांत गॅले आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट स्टेडियमांत सुरू जावपी, भारत आनी श्रीलंकेच्या दोन मॅचीच्या मालिकेची पयली मॅच आयज जातली.

सकाळीं 10 वरांचेर मॅच सुरू जाली. भारताच्या ८०व्या स्वातंत्र्य दिसा दादल्यांचो पंगड, आयज आपल्या ६००व्या कसोटी मॅचींत वाटेकर जातलो. संवसारीक कसोटी सर्तींत, सध्या भारत पांचवे सुवातेर आसा, जाल्यार श्रीलंका सव्या क्रमांकाचेर आसा.

परतुन एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- भारत देश आयज आपलो, 80वो स्वातंत्र्यताय दीस मनयता. दिल्लीच्या लाल किल्ल्यार, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी, देशाचे फुडाकारपण करताना, राश्ट्रध्वज उबारलो. लाल किल्ल्यार पयलेच खेपे, 'वंदे मातरम' राश्ट्रीय गीत जाले सादर. प्रधानमंत्र्यांनी राष्ट्राक केले संबोधित.

- राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी स्वातंत्र्य दिसानिमतान, संरक्षण दळ आनी कैंद्रीय सशस्त्र पुलीस दळाच्या कर्मचाऱ्यांक भेटोवपी, 78 गॅलेंट्री पुरस्कारांक मान्यताय दिल्या.

- भारतीय अर्थवेवस्था सगळ्यांत नेटान वाडपी मुखेल अर्थवेवस्था थारल्या, अशें राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी सांगलां.

- जम्मू-काश्मीर आनी लद्दाख हो भारताचो एक अविभाज्य आनी अभिन्न भाग, अशें भारतान परतून सांगलां.

- क्रिकेटांत गाले आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट स्टेडियमांत सुरू जावपी, भारत आनी श्रीलंकेच्या दोन मॅचीच्या मालिकेची पयली मॅच, आयज जाता.